# राष्ट्रीय खबरो

२८.०७.25 @ 8.40

- गोंयची राजधानी पणजी शाराक  स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी राश्ट्रपती पुरस्कार फावो जाल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गोंयचे अभिनंदन केले.
- जर भारताच्या सार्वभौमत्वाचेर हल्लो जालो तर भारत कसो प्रतिसाद दितलो हे ऑपरेशन सिंदूरान जगाला दाखोवन दिले अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला
- आज सावन लोकसभेंत ऑपरेशन सिंदूराचेर चर्चा सुरू जावपाची शक्यताय आसा
- बुध्दिबळांत आयज फिडे बायलांच्या विश्वचषकांत जैतिवंत थारपा खातीर ग्रॅण्ड मास्टर कोनेरु हंपी आनी आंतरराष्ट्रीय मास्टर दिव्या देशमुख हांचे मदीं जलद आनी ब्लिट्ज टायब्रेकांत खेळ जातलो.

२१ व्या शतकतल्या भारतात विज्ञान नव्या उर्जेने प्रगती करता हाचो  अभिमान प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी  व्यक्त  केलो. आकाशवाणीवेल्या त्यांच्या मन की बात कार्यक्रमात देशाक  संबोधित करताना, मोदींनी भारतीय हवाई दलाचे ग्रुप कॅप्टन शुभांशू शुक्ला यांच्या अंतराळातल्यान परत येवपा  विशी सांगले की भारतीय अंतराळवीर पृथ्वीचेर सुरक्षितपणान देवले तेन्ना आनंदाची लाट आयली आणि पुराय देशात अभिमानाची भावना पातळली.  ऑगस्ट २०२३ त चांद्रयान-३ च्या यशस्वी लँडिंगान देशात एक नवीन वातावरण निर्माण जाल्ले हाची ताची ताणी याद काडली. ताणी म्हणले की भुरगी विज्ञान आणि अवकाशाबद्दल उत्सुकता दाखोवंक लागल्यात आणि  भुरग्यामदी नवोपक्रमाक चालना दिवपाक एक मोहीम, इन्स्पायर-मानक अभियानाचेर ताणी उजवाड घालो. त्यांनी देशात अंतराळ क्षेत्रातल्या स्टार्ट-अप्सच्या जलद वाढीचो उल्लेख केलो. २३ ऑगस्टक राष्ट्रीय खेळा दिस मनयतले ताका नमो एपा वरवी कसो मनोवचो हे विशीच्यो कल्पना सामायिक करण्याचे आवाहन ताणी  केले. या महिन्याच्या सुरुवातीक दुबईत जाल्या आंतरराष्ट्रीय रसायनशास्त्र ऑलिंपियाडात पदका जिंकून देशाक गौरव मेळोवन दिवपी भारतीय विद्यार्थ्यांचे  मोदी यांनी कौतुक केले. ऑस्ट्रेलियात जाल्या आंतरराष्ट्रीय गणितीय ऑलिंपियाडात भारतीय विद्यार्थ्यांनी तीन भांगरा, दोन रुपया आणि एक कांस्यपदक जिंकले.

युनेस्कोन १२ मराठा किल्ल्यांक जागतिक वारसा थळ म्हणून मान्यता दिल्याबद्दल प्रधान मंत्रयान अभिमान व्यक्त केलो. १८ वर्साचो स्वातंत्र्यसैनिक खुदीराम बोस हांच्या धाडसाचे दर्शन घडयत ऑगस्ट महिनो हो क्रांतीचो महिना असल्याचे मत व्यक्त केले. १ ऑगस्टक लोकमान्य बाळ गंगाधर टिळक हांची पुण्यतिथी आणि ८ ऑगस्टक सुरू जाल्या महात्मा गांधींच्या फुडारपणाखाला भारत छोडो आंदोलनाचेय ताणी स्मरण केले. मन की बातच्या या भागात, ताणी भारतीय लोकगीता आणि परंपरांमदी मेळपी विविधताये विशीय सांगले. ताणी भोपाळातल्या 'सकरात्मक सोच' नावाच्या टीमचे कौतुक केले, ज्यातुन २०० बायलांचो आसपाव आसा.

गोंयची राजधानी पणजी शाराक स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी राश्ट्रपती पुरस्कार फावो जाल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गोंयचे अभिनंदन केले. पणजे शारात कोयराचे 16 प्रकारत विभागणी करुन ताचो रितसर विल्हो लायतात, महत्वाचे म्हणल्यार पणजेच्या कोयर प्रकल्पात हे काम बायलो करतात अशे म्हणीत प्रधानमंत्री नरेंद मोद हांणी ह्या बायलांची तुस्त केल्या.

पणजी शाराच्या नितळसाण प्रयत्नांची दखल घेतल्याबद्दल गोयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानले.पणजेच्या परिवर्तनाची मान्यताय मेळप आनी स्वच्छ सर्वेक्षणांतल्यान मेळिल्लो प्रतिश्ठीत राष्ट्रपती पुरस्कार हो कोयर वेवस्थापनांत फुडाकार घेवपी बायलांच्या उल्लेखनीय योगदानाचो परिणाम आसा अशें तांणी सांगलें.

गोंयाक परबी दील्ल्याबद्दल गोयचे राना आणि शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी खोस उक्तायली .ह्या फुडे लेगीत गोयांक नितळ दवरपाची मोहीम तीतल्याच नेटान सुरू उरतली अशे तांणी म्हळा.

नितळसाण कामगारां वांगडा मन की बात कार्यावळ आयकून पणजेचे नगराध्यक्ष रोहित मोनसेरात हांणी सांगलें कि ही मान्यताय नितळसाण कामगार, नगरसेवक आनी नागरिकांची आसा. फुडाराक आनीकय व्हड परिणाम मेळोवपा खातीर यत्न करपाचीय आश्वासन तांणी दिले. मन कि बात कार्यावळीचो समारोप करताना, मोदींनी हरियाली तीजनिमित्त देशाक शुभेच्छा दिल्या.सावनच्या पावसात, देश परत एकदा सण उत्साहान मनयतलो. नागपंचमी, रक्षाबंधन आणि जन्माष्टमीसारखे येवपी सण लोकांच्या भावनांकडे जोडलेले आसात, अशे म्हणुन ताणी लोकांक शुभेच्छा दिल्यो .

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की, ऑपरेशन सिंदूरान जगाला दाखोवन दिले की, जर भारताच्या सार्वभौमत्वाचेर हल्लो जालो तर भारत कसो प्रतिसाद दितलो. ह्या लष्करी कारवाईन देशभरात आत्मविश्वासाची एक नवीन भावना निर्माण केली . ते तामिळनाडूत गंगाईकोंडा चोलापुरम हांगा प्रतिष्ठित चोल राजा राजेंद्र चोल-१ यांच्या जयंती समारंभात उलयताले. ऑपरेशन सिंदूरान हे लेगीन सिद्ध केले की भारताक लक्ष्य करपी दुस्तानआणि दहशतवाद्यांखातीर खंयचेय सुरक्षित आश्रयस्थान ना. ऑपरेशन सिंदूरान जगाक एक स्पष्ट संदेश दिला की भारत आपल्या सुरक्षिततेक आणि सार्वभौमत्वाक येवपी कसल्याय धोक्याक नेटान प्रत्युत्तर दितलो. भारतीय इतिहास आणि संस्कृतीत त्यांच्या योगदानाचा सन्मान करपाक तामिळनाडूत चोल सम्राट राजा चोल आणि राजेंद्र चोल-१ हांचे भव्य पुतळे उभारतले. चोल साम्राज्य भारताच्या सुवर्णकाळाचे प्रतिनिधित्व करता ज्यातुन वास्तुकला, प्रशासन, राजनयिकता, व्यापार आणि सांस्कृतिक एकात्मता या क्षेत्रातल्या कामगिरीन गौरव दिला अशेय ताणी म्हळे

आज सावन लोकसभेंत ऑपरेशन सिंदूराचेर चर्चा सुरू जावपाची शक्यताय आसा. संसदेच्या चालू आशिल्ल्या पावसाच्या अधिवेशनांत पहलगाम आतंकवादी हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूरा खाला भारतान दिल्लो प्रतिसाद हांचे विशीं खाशेली चर्चा जातली अशी म्हायती संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हानी दिली. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांच्या अध्यक्षतेखाला वेवसायीक सल्लागार समितीचे बसकेंत हो निर्णय घेतला अशें रिजिजू हांणी सांगलें. लोकसभेंत चर्चा करपाक 16 वरां वेळ दिला, जाल्यार मंगळारा राज्यसभेंत 16 वरां चर्चा जातली अशें तांणी सांगलें. रिजिजू हांणी फुडें सांगलें की, विरोधी पक्ष ऑपरेशन सिंदूराचेर चर्चा करपाची मागणी करता आनी सरकारान पयल्या दिसा सावन तें मान्य केलां.

भारत-सिंगापूर संयुक्त लष्करी सराव बोल्ड कुरुक्षेत्र २०२५ ची १४ वी आवृत्ती काल जोधपूरात सुरू झाली.हो सराव फुडल्या महिन्याच्या ४ तारखे मेरेन चलतलो. हो सराव, टेबलटॉप सराव आणि संगणक-आधारित युद्ध खेळ म्हणून आयोजित करतले ज्याचा उद्देश यांत्रिक झुजा खातीर ऑपरेशनल प्रक्रियांचे प्रमाणीकरण करप आसा भारतीय सैन्याकडच्यान उपकरणांच्या प्रदर्शनान हाचो समारोप जातलो. संयुक्त राष्ट्रांच्या आदेशाप्रमाण दोन्ही सैन्यांची परस्पर कार्यक्षमता आणि संयुक्त प्रशिक्षण क्षमता वाडोवन हो या सरावाचोउद्देश आसा, ज्याकालागुन द्विपक्षीय संरक्षण सहकार्य मजबूत जातले

गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणाला की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांचो दृढ संकल्प आणि देशवासीयांच्या तेक्यान जगभरात दहशतवादाक शून्य सहनशीलतेचो संदेश मेळला. नवी दिल्लीत ८ व्या राष्ट्रीय सुरक्षा धोरण परिषदेक संबोधित करताना ताणी म्हणले की, भारताच्या वाढत्या प्रतिष्ठेक लागुन येवपी काळात राष्ट्रीय सुरक्षा आव्हाना वाढतली. पुडली ५-१० वर्सा देशाच्या विकास आणि सुरक्षे खातीर खूप महत्त्वाची आसतली. सगळ्या प्रशिक्षण कार्यक्रमात तरुण अधिकाऱ्यांचो समावेश करून त्यांका राष्ट्रीय डेटाबेसचो वापर करचो अशे आवाहन त्यांनी केले. गृहमंत्र्यांन प्रत्येक राज्य पोलिस दल आणि केंद्रीय संस्थांक उत्कृष्टतेखातीर प्रयत्न करपाचे आणि अंतर्गत सुरक्षा आव्हानांक तोंड दिवपाक निरोगी स्पर्धेची भावना जोपासपाचे निर्देश दिले. आपल्या भाषणात शाह यांनी व्हड ड्रग्ज कार्टेल्सविरुद्ध कारवाई सुरू करपाक वरपासून सकयल मेरेन आणि सकयलपासून वयरमेरेन दृष्टिकोनाची आवश्यकता असल्याचे सांगले, तसेच नार्को-गुन्हेगारांच्या प्रत्यार्पणाचेर लक्ष केंद्रित क्रपाक सांगले .

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी वडोदरा हांगा सविस्तर बसका घेवन गुजरातांतल्या वेगवेगळ्या रेल्वे प्रकल्पांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. हे बसकेंत वडोदरा खासदार डॉ.हेमांग जोशी, मध्य आनी अस्तंत रेल्वेचे सरव्यवस्थापक, विभागीय रेल्वे वेवस्थापक आनी हेर रेल्वे अधिकारी हाजीर आशिल्ले

ओल्ड ट्रॅफर्डांत इंग्लंडा आड जाल्ले चवथे कसोटीचे पांचव्या दिसा भारतीय क्रिकेट पंगडाचो कर्णधार शुबमन गिलान शानदार शतक झळकायत जायते संवसारीक विक्रम मोडले. कर्णधार म्हणून पदार्पण करतना कसोटी मालिकेंत चार शतक करपी गिल हो पयलो फलंदाज थारलो. कर्णधार म्हणून पदार्पणाच्या मालिकेंत वॉरविक आर्मस्ट्रांग, डॉन ब्रॅडमन, ग्रेग चॅपल, विराट कोहली आनी स्टीवन स्मिथ हे पांच खेळगडे. गिलाचे शतक म्हणल्यार आतां इंग्लंडा आड जाल्ले कसोटी मालिकेंत कर्णधार म्हणून तो सर्वाधिक शंबर धांवड्यो करपी थारला. गिल हे नामनेचे वळेरेंत येवचे पयलीं फकत डॉन ब्रॅडमन आनी सुनील गावस्कर हांणी कर्णधार म्हणून कसोटी मालिकेंत चार शतका केल्ली.

मजगती क्रिकेटांत ओल्ड ट्रॅफर्ड हांगा जाल्या अँडरसन-तेंडुलकर ट्रॉफीच्या चौथ्या कसोटीत इंग्लंडला बरोबरीत रोखपाक  भारतान जबरदस्त संघर्ष केलो. आपल्या दुसऱ्या डावांत पांच सत्रां परस चड फलंदाजी केली आनी बरोबरीचेर सहमती जाली तेन्ना 4 बाद 425 धांवड्यो केल्यो.

बुध्दिबळांत आयज दनपारां जॉर्जियाच्या बटुमी  शारांत जावपी फिडे बायलांच्या विश्वचषकांत जैतिवंत थारपा खातीर ग्रॅण्ड मास्टर कोनेरु हंपी आनी आंतरराष्ट्रीय मास्टर दिव्या देशमुख हांचे मदीं जलद आनी ब्लिट्ज टायब्रेकांत खेळ जातलो.

भारतीय हवामान विभाग (IMD)न  आयज उदेंत राजस्थानांत खूब दडकांनी  ते सामको व्हड प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास दीला. मध्य भारत आनी अस्तंत दर्यादेग आनी लागसारच्या घाटांचेर पावस सक्रीय जावपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. आयज उत्तराखंड, अस्तंत उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश, गुजरात, कर्नाटक, मध्य  महाराष्ट्र, नागालँड, मणिपूर, त्रिपुरा, अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात केरळ, गोंय, सौराष्ट्र, अस्तंत बंगाल आनी अस्तंत राजस्थानांतय आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.